Akashvani Panaji Regional news 7.20 pm 6th July 2025

तरणाट्या पिळगेक सहकारी क्षेत्रांत प्रवेश मेळोवपाक आनी सहकारी कायद्याक पाळो दिवपाक गोंयांत आनी देशांत फावो तें पोषक वातावरण आसा अशें सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी सांगलें. सहकार मंत्रालयाच्या चवथ्या स्थापणूक दिसाचो कार्यक्रम गोंय सरकाराच्या सहकार खात्यान फोंडाच्या राजीव गांधी कला मंदिरांत आयोजीत केलो. ह्या कार्यावळींत सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकर मुखेल सोयरो म्हूण हाजीर आशिल्ले. तांणी गोंयांत सहकारी गांव तयार करपाची गरज आसा अशें आवाहन केलें. ह्या क्षेत्रांत काम करपी लोकांनी आपलीं वचनबद्धताय पाळप गरजेचें अशें तांणी सांगलें. भारत उदरगतीच्या मार्गाचेर आशिल्ल्यान सहकारी क्षेत्राचें म्हत्वाचें योगदान आसतलें अशें तांणी फुडें उलयतना सांगलें.ह्या वेळार सहकारी खात्याचे सहकार निबंधक आशुतोष आपटे, मुखेल वक्ते सतीश मराठे, सहकार सचीव यतींद्र मराळकार, प्रवासी भारतीय आयुक्त नरेंद्र सावाईकर, आदले मंत्री प्रकाश वेळीप, आनी संघाचो अध्यक्ष विजयकांत गांवकार ह्या वेळार माचयेर हाजीर आशिल्ले. ह्या काऱ्यक्रमाक सहकार निबंधक आशुतोष आप्टे हांणी येवकार दिलो. सहकारी मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी सहकारी खात्याच्या ऑनलायन सेवांचें उक्तावण केलें. सहकारी क्षेत्र खूब व्हड आसून, भारताचे अर्थवेवस्थेंत सहकारी क्षेत्राचो सुमार 30 टक्के वांटो आसा अशे तांनी सांगले . सहकारी संस्था ही एक चळवळ आसून देशाचे उदरगतींत तांचो व्हड योगदान आसा. ह्या वेळार आयएएस अधिकारी आनी सहकारी सचीव यतींद्र मराळकार हांचे उलोवप जाले.

---

श्री साई सेवा मंडळ साखळी गोय  हांगाच्या श्री साईबाबा मंदीराचो मूर्ती प्रतिष्ठापना वर्धापन दिस काल वडा उमेदीन आणि विंगड विंगड कार्यावळीनी मनोवपात आयलो .हे निमित्तान साखळीच्या  साईबाबा मंदिरात सकाळसावन धार्मिक विधी जाले. दनपारा महाप्रसादाची कार्यावळ जाली. इतले मजगती  मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं श्री साईबाबा मंदिरात येवन देवाची पूजा केली .उपरांत सांजवेळा स वरांचेर तरणाटो गायक शुभम नायक आणि सांगात्यांची गायनाची कार्यावळ

जाली.ही कार्यावळ साखळी नगरपालिकेचे नगरसेवक श्री दयानंद बोरयेकर हाणीं पुरस्कृत केल्ली.

---

सम्राट क्लब इंटरनॅशनल राज्य एक , कला आनी संस्कृती खाते तशेच रवींद्र भवन साखळी यांच्या संयुक्त जोडपालवान सम्राट संगीत सितारा अंतिम फेरी आयज सांजवेळा साखळीच्या रवींद्र भवनात जाता. या सुवाळ्याक उक्तावण सोहळ्याक मुखेल सोयरे म्हणून राज्याचे मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हजर आसतले. त्यांचे वांगडा मानाची सोयरी म्हूण विदुषी गायिका अलका देऊ मारुलकर, मानाचे सोयरे म्हूण कला आणि संस्कृत संस्कृती खात्याचे संचालक सगुण वेळीप, साखळी रविंद्र भवनचे उपाध्यक्ष श्री दत्तराम चीमुलकर, उद्योजक श्री सतीश माशेलकर आनि हेर मानेस्त हजर आसतले. सम्राट संगीत सितारा अंतिम फेरीत सुरभी सुरेश, श्रुती सावंत ,आनिमी हेगडे ,कोमल नाडीगर, सदानंद झो, श्रुती,सालेलकर भाग घेतले.

---

7 जुलय 2025 दिसा 11 केव्ही सांगे फिडराचेर ताकतिकेचें दुरूस्ती काम करपाचें आशिल्ल्यान सकाळी 9.00 ते सांजेची 5.30 वरा मेरेन वरकट्टो, पिराराज, झरीवाडो आनी सरभोवतणच्या वाठारांत वीज पुरवण जावची ना.तशेंच. 8 जुलय 2025 दिसा 11 केव्ही सांगे फिडराचेर ताकतिकेचें दुरूस्ती काम करपाचें आशिल्ल्यान सकाळी 9.00 ते सांजेची 5.30 वरा मेरेन दांडो, पेट्रोल पंपा लागी आनी सरभोवतणच्या वाठारांत वीज पुरवण जावची ना.

---

आयज आषाढी एकादशीच्या निमतान फोंडा तालुक्याच्या वेगवेगळ्या विठ्ठलांच्या आनी हेर देवळांनी आषाढी एकादशी उत्सव व्हड उमेदिन मनयलो.वयलो बाजार फोंडाच्या विठोबा देवळांत आषाढी एकादशी निमतान वेगवेगळे कार्यावळी आयोजीत केल्यो. तिशे बोरी हांगाच्या विठ्ठल राखुमाई देवळांत तशेंच फोंडा तालुक्यांतल्या हेर देवळांनी आषाढ़ी उत्सव व्हड उमेदिन मनयताले. बोरी हांगाच्या श्री नवदुर्गा देवळात एक दिसाचो अखंड भजनी सप्तक घडोवन हाडलो. भक्तांनी सकाळीं सावन विठूरायचें दर्शन करून आनी नाम दिंडित आनी भजनी सप्तकांत वांटो घेवन आषाढ़ी एकादशी उत्सव मनयलो. बोरीच्या विवेकानंद संस्थेन नारायण देवस्थानं

ते नवदुर्गा देवस्थान मरेन पायान चलत वचपाची वारीचे आयोजन केल्ले. ह्या उपक्रमात व्हडा प्रमाणात भूरगी,पालक आणि ग्रामस्थ सहभागी जाल्ले.

---

पावसाळी अधिवेशनाचें कामकाज थारावपा खातीर कामकाज सल्लागार समितीची बसका मंगळारा 8 जुलयाक सांजे विधानसभेत जातली. पावसाळी अधिवेशन 21 जुलय ते 8 ऑगस्ट मजगतीं जातलें. सभापती रमेश तवडकार हांचे अध्यक्षते खाला बसका जातली, अशी म्हायती विधानसभा सचिव नम्रता उल्मन हांणी दिली.ही बसका फाल्या 7 तारखेक जावपाची आसली. मात ती निमण्या वेळार फुडें धुकल्ली, अशी माहिती विधानसभा सचिव नम्रता उल्मन हांणी दिली. अधिवेशना खातीर आमदारां कडल्यान प्रस्न स्विकारपाक सुरवात जाल्या. 15 जुलय मेरेन अधिवेशना खातीर प्रस्न स्विकारतले. अधिवेशना खातीर येवपी सरकारी विधेयकां आजूनय निश्चीत जावपाचीं आसात. अधिवेशन 15 दिसांचें आतलें. शुक्रारचो दीस हो खासगी कामकाजाचो दीस आसतलो. अधिवेशन आदले प्रमाणे सकाळीं 11.30 वरांचेर सुरू जातलें. प्रस्न जापेचें सत्र जाले उपरांत प्रसंन तास  आनी सुचवण्यांचेर चर्चा जातल्यो. दनपार मेरेन चर्चा आनी खात्यांच्या मागण्यांक मंजुरी मेळटली, अशी म्हायती विधानसभा सचिव नम्रता उल्मन हांणी दिली.

---

गोयचे पंढरपूर म्हूण फामाद आशिल्ल्या विठ्ठलापूर साखळी हांगासरल्या श्री विठ्ठल मंदिरात आषाढी एकादशीची कार्यावळ वडा उमेदिन आनी  धार्मिक कार्यावळीनी मनोवपात आयली. या निमित्तान श्री विठ्ठल मंदिरात सकाळसावन अभिषेक करपाची संद भावीकांक मेळ्ळी. गोंयच्या विंगड विंगड भागांतल्यान वारकरी मंडळींची वारी श्री विठ्ठल मंदिरात आयली .हातून दिवचल, मुळगाव ,पिळगाव , मापसा ,अस्नोडे, कारापूर आमोणा हांगासावन वारी आयली . मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत त्यांची घरकान सुलक्षणा सावंत, मयेचे आमदार श्री प्रेमेंद्र शेट हाणीं विठ्ठल मंदिरात येवन अभिषेक आणि देवाची पूजा केली. ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणि सांगले की गोयकारांच्या आणि गोंयच्या सर्वांगी उदरगती खातीर आपुण देव विठ्ठला चरणी प्रार्थना.

पणजी वेधशाळेनं नोंद केलेल्या प्रमाण पंजेत चंडांत चड तापमान 29 अंश celcius नोंद जाला तर ऊनयात उनो 26 अंश celcius नोंद जाला. राज्यांत फुडले संत दिस व्हड प्रमाणान पावस पडू येता अशे गोय वेधशाळेन कळीत केला

क्रिकेटांत बर्मिंघमांतल्या एजबॅस्टनांत जाल्ले अँडरसन-टेंडुलकर ट्रॉफीचे दुसरे कसोटींत भारत कमांडिंग सुवातेर पावला . इंग्लंड 536 धांवड्यांनी व्हड प्रमाणांत फाटीं आसा आनी यजमानांनी चवथो दीस 72 धांवड्यो केलयो.